# सर्जनशील मन समाजात परिवर्तन घडोवपाक शकता: पिल्लई

ता. 18 जून 2025

सर्जनशील मन समाजात परिवर्तन घडोवपाक शकता आनी भारतात भरपूर सर्जनशीलता आशिल्ल्या तरणाट्यांची संख्या खुप व्हड आसा, जीचो वापर राष्ट्र उभारणी खातीर करप शक्य आसा, अशें, राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज पणजेच्या आझाद मैदानाचेर जाल्ल्या गोंय क्रांती दीस कार्यक्रमात हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपून गोंय मुक्ती चळवळीतले हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां ओपल्या उपरांत उलयताना सांगलें.

राज्यपाला सयत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्तांनी हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपून गोंय मुक्ती चळवळीतले हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां ओपली.

राज्यपालान स्वातंत्र्य सैनिकांच्या बलिदानाचे स्मरण करून तांणी गोंय मुक्ती खातीर केल्ल्या त्यागा पासून आमी प्रेरणा घेवपाची गरज व्यक्त केली. स्वातंत्र्य सैनिकांनी गोंय हे एक खुशालकाय, शांतीकाय आनी विकसित राज्य जावपाची सपनां पळयल्ली. तांची सपनां आनी अपेक्षा पुराय करपा खातीर गोंयच्या लोकांनी पुर्नसमर्पित जावपाचो उलो राज्यापालान ह्या वेळार मारलो.

गोंय मुक्ती चळवळीच्या इतिहासाचो उगडास करून दितना राज्यपालान डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी गोंयांत येवन स्वातंत्र्य चळवळीची किट पेटयली आनी लोकांक गोंय मुक्ती चळवळीत वाटो घेवपाक प्रेरित केले. शेवटी जेन्ना भारत सरकारान पोर्तुगीजांआड लष्करी कारवाय सुरू केली तेन्ना गोंय मुक्तीचे स्वप्न प्रत्यक्षात आयले. व्हडा कश्टांनी मेळयिल्ले हे स्वायंत्र्य तिगोवन दवरपा खातीर आयच्या तरणाट्यांनी जागरूक रावन समाजा खातीर काम करपाची गरज आसा, अशेंय राज्यपालान सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ह्या वेळार गोंयच्या जनतेक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयली आनी गोंयच्या तरणाट्या पिळगेन गोंय मुक्ती चळवळीचो इतिहास जाणून घेवपाची गरज व्यक्त केली आनी त्या खातीर गोंय मुक्ती चळवळीचेर एक ॲनिमेटेड चित्रपट तयार करपात येता म्हणपाचे सांगलें.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान गोंय मुक्ती खातीर हुतात्मे जाल्ल्या सुटके झुजाऱ्यांच्या त्यागाचे स्मरण केले. मुख्यमंत्र्यान 2037 मेरेन गोंयांक एक विकसित आनी स्वयंपूर्ण राज्य करपा खातीर लोकांनी सरकाराक सहकार्य करपाचो उलो मारलो.

गोंय स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री रोहिदास देसाय हांणी हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या बलिदानाचो उगडास करून शांतताप्रिय आनी सुरक्षित राज्य म्हूण गोंयची वळख सांबाळून दवरपाची गरज व्यक्त केली.

सुरवातीक बाल भवनाच्या भुरग्यांनी देशभक्तीर गीतां गायली. पुलीसाच्या पंगडान "शस्त्र सलामी" दिली जाल्या पुलीस बँड पंगडान लास्टपोस्टची धून वाजोवन हुतात्म्यांक आदरांजली ओपली.

जलसंपदा मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर, वीज मंत्री श्री रामकृष्ण उर्फ सुदिन ढवळीकर, विरोधी पक्षनेते श्री युरी आलेमाव, मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस म्हासंचालक श्री आलोक कुमार, सरकारी सचीव, अधिकारी, स्वातंत्र्य सैनिक, विद्यार्थी आनी नागरिक कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

उत्कर्षा भुस्कुटे हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/552

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.